# राज्यपालांक गोंयच्यान निरोप

ता. 24 जुलय 2025

राज्यपाल श्री पी एस श्रीधरन पिल्लई हांका आयज राजभवनाच्या दरबार हॉलांत आयोजीत कार्यक्रमाक निरोप दिलो. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, केंद्रीय उर्जा राज्यमंत्री श्री. श्रीपाद नाईक, भलायकी मंत्री श्री. विश्वजीत राणे, गोंय विद्यापाठाचे कुलगुरू प्रो. एच. बी. मेनन, राज्यपालाचे सचीव संजीव गावस देसाय, विशेश अधिकारी आर. मिहिर वर्धन आनी हेर मानेस्त ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

ह्या वेळार उलयतना मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी राज्याचे प्रशासन बरे तरेन चलोवपाक सहकार्य केल्ले खातीर राज्यपालाचे उपकार मानले.

केंद्रीय उर्जा राज्यमंत्री श्री. श्रीपाद नाईक हांणीय राज्यपालान गोंयच्या लोकांच्या कल्याणा खातीर केल्ल्या वावराची तोखणाय केली.

निरोपाच्या कार्यक्रमात राज्यपालान 38 कॅन्सर आनी डायलिसिस दुयेंतींक अर्थिक मजत भेटयली. तशेंच लोककल्याणकारी वावर करपी संस्थांकय अर्थिक मजत भेटयली.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/637

--

-------------------------------------------------------------------------------------------


Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.